पणजी प्रादेशिक

18.04.2025

7.20 pm

## प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज तशे शीख गुरू गुरु तेग बहादूर हांच्या प्रकाश पुरब निमतान तांकां आदरांजली ओंपली.गुरु तेग बहादूर हे भारतीय म्हान आध्यात्मीक मनाली वाहकां मजगतचे एक गुरू आशिल्ले अशें प्रधानमंत्र्यानी मुखार म्हळां.गुरु तेग बहादूर हांचीं जीण धीर आनी आनी मायामोगाचें प्रतीक आशिल्लें,अन्यायाआड तें सदांच झुंझताले,तांचे शिकवणींतल्यान कलपीत समाज घडोवपाखातीर देसाक उर्बा मेळटली अशेंय प्रधानमंत्र्यानी मुखार म्हळां.

## मुखेलमंत्री फेलोशिप

मुखेलमंत्री फेलोशिप येवजणेक ३१ मे २०२७ मेरेन दोन वर्साची मुजतवाड दिल्या.हे विंशी सरकारान अधिसुचोवणी जारी केल्या. ह्या फेलोशिप येवजणेवरवी तरणाट्या वेवसायिकांक प्रशासकीय कामाची म्हायती मेळची म्हण ११ म्हयन्याक नेमतात, जाल्यार तांका ३० हजार रुपया इतके म्हयनुकी मानधन ह्या काळात दितात.१९ मे २०२१ वर्सा सराकरान ही येवजण चालीक लायल्या. ह्या येवजणेवरवी दर वर्सा १० पात्र उमेदवारांची निवड जाता. जाल्यार ह्या उमेदवारांक गोंय सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खाते वेगवेगळ्या सराकरी खात्यानी कामाक नेमता.२१ ते २७ वर्सा पिरायेच्या पदव्युत्र पदवीधारक तरणाट्यांक ह्या येवजणेवरवी प्राधान्य दितात.

## येरादारी म्हामंडळान

दंब येरादारी म्हामंडळान बंगळुरू, शिर्डी, हौदराबाद, मुंबय, धर्मस्थळ आनी हम्पी मार्गार दिसपट्टी नवीन एअर कंडिशन आनी आरामदायी आंतरराज्य बस सेवा

सुरू केल्या. म्हापशें ते बंगळुरू एसी स्लिपर बस म्हापशेंच्यान सांजेच्या 5.30 वरांचेर सुटून पणजी, मडगांव, फोंडा, अनमोड, धारवाड, हुबळीच्यान बंगळुरू पावतली आनी दुसऱ्या दिसा परती बंगळुरू सावन 7.45 वराचेर सुट्टली.मडगांव ते पुणे-शिर्डी एसी स्लिपर बस मडगांवच्यान सांजेच्या 5.00 वराचेर सुटून पणजी, म्हापशें, बांदा, पुणेच्यान शिर्डी पावतली . गोवा-हैदराबाद एसी स्लिपर बस मडगांवच्यान सांजेच्या 4.00 वराचेर सुटून पणजी, म्हापशें, साखळी, बेळगाव, विजयपूरा, कलबुर्गीच्या हैदराबाद पावतली.तशेंच म्हामंडळा वतीन गोंय- मुंबय, धर्मस्थळ आनी हम्पी मार्गार बस सेवा सुरू करपात येतली. चड म्हायती आनी ऑफलायन तिकेट बुकिंगे खातीर म्हामंडळाच्या www.goakadamba.com or www.redbus.in ह्या वेबसायटीचभेट दिवची. तशेंच म्हामंडळाच्या लागीच्या कार्यालयांत भेट दिवची.

## साष्टी तालुक्यात गुड फ्रायडे पाळलो

मडगाव : लोकांची पातकां भोगसुपाक जेजू ख्रिस्तान स्वताक खुरसार चढोवन घेतलो. जेजू ख्रिस्ताच्या या त्यागाची याद म्हणून पवित्र शुक्रार म्हणल्यार गुड फ्रायडे हो दिस पाळतात. आयज पुराय गोया वांगडा साष्टी तालुक्यात हो दिस भक्तिभावान पाळलो. ते खातीर इंग्रजांनी दीस भर धार्मिक कार्यावळी जाल्यो.

आयज सकाळी जेजूक खुरसार चडोवपाची कार्यावळ मडगावच्या मोती डोंगरावेल्या कपेलामुखार जालो. सुमार २५ मीटर उंच आशिल्ल्या खुरसाचेर देवाची प्रतिमा चडयल्ली. ह्या वेळार भाविकांनी प्रार्थना केल्यो. शेकड्यांनी भाविकांनी तांतूंत वाटो घेतील्लो. उपरांत सांजवेळा देवाचे मरणयात्रेचे पुरसाव जालें.

साष्टीतल्या हेर गावानीय अशी पुरसावा जाली.

## भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण

भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण गोंय फाट्यावतीन WORLD HERITAGE DAY च्या फांटभुयेंर आयज पोरण्या गोंया ST . AUGUSTIN CHURCH वाठारात DIGITAL HERITAGE WALK चे ही सेवा चालीक लायल्या.ST . AUGUSTIN tower विशी

इतिहासिक तशेंच  पुरातत्व महत्ववीशी आशिल्ली म्हायती  हांगा येवपी पर्यटकांक, तशेंच इतीहास मोग्यांक मेळची ह्या हेतान हो उपक्रम  चालीक लायला अशी म्हायती  भारतीय पुरातत्व खात्याचे supretending archiologist अभिजीत आंबेकर हांणी  दिली. ह्या उपक्रमावरवी QR code scan करून ईतीहासीक

थळांची आपल्याक जाय त्या भाशेन म्हायती मेळटली

गोंय माध्यमीक शिक्षण

गोंय माध्यमीक शिक्षण मंडळान १२ वेच्या पुरवणी परिक्षेचें अंतीम वेळापत्रक जाहीर केलां. ही परिक्षा उत्तर आनी दक्षिण गोंय अशा दोन केंद्रांनी जातली. उत्तर गोंयांतलें म्हापसा केंद्र पुरुषोत्तम वालावालकर उच्च माध्यमीक शाळेंत आसतलें, जाल्यार दक्षिण गोंयांतलें मडगांव परिक्षा केंद्र शासकीय बहुउद्देशीय उच्च माध्यमीक शाळा मंडळ, बोर्डा मडगांवांत आसतलें. ७ मे सावन पुरवणी परिक्षा सुरू जातली. विज्ञान, कला आनी वाणिज्य शाखेची परिक्षा १७ मेक सोंपता, जाल्यार वेवसायीक शाखेची परिक्षा १२ मेक सोंपतली अशी म्हायती गोंय शिक्षण मंडळाचे सचीव विद्यादत्त नायक हांणी दिल्या. परिक्षेचें सकाळचें सत्र सकाळीं साडे णव वरांचेर आनी दनपारचे सत्र दनपारां अडेच वरांचेर सुरू जातलें अशी म्हायती गोंय शिक्षण मंडळान दिल्या. परिक्षा सुरू जावचे आदी उण्यांत उणें एक वर विद्यार्थ्यांनी परिक्षा केंद्रांत पावूंक जाय. विज्ञान फाट्यांची प्रात्यक्षिक परिक्षा १९ मे सावन सुरू जातली आ वेळापत्रक उपरांत उजवाडायतले अशी म्हायती शालांत मंडळान दिल्या.

GOA FIRE RUN

GOA FIRE RUN 2025 च्या फांटभुयेंर आयज गोंय उजो पालोवपी दळान ह्या मेरोथोनाचे खाशेले टी- शर्टाचे  तशेंच मॅडलाचे अनावरण केला.  गोंय उजो पालोवपी दळ आनी पर्वरेची रोटरी क्लबाच्या जोडपालवान 20 एप्रीलाक सकाळी 6:30 वराचेंर ह्या  मेराथोनाचे आयोजन केला. घटमुट भलायकी आनी फायर सेफ्टी विंशी

जागृताय करपाच्या हेतान unite to ignite fire safe india ह्या संकल्पनेवरवी ह्या मेरोथोनाचे आयोजन केला अशी म्हायती गोंय उजो पालोवपी दळाचे संचालक नितीन रायकर हांणी दिल्या.2 आनी 5 कीलो मीटर अंतराचेर पणजे सांत इनेज उजो पिलवपाच्या दळाच्या कार्यालयाकडल्यान मेराथाॅन सर्त सुरू जातली.ह्या मेरोथाॅन रनात 250 जाण वाटो घेतले.

सीआयसी

मडगाव खबर सीआयसी कडल्यान लुकसाण भरपायेचो आदेश याचिकादाराक म्हायती दिवपाक कळाव केल्ल्यान ताचो वेळ, शक्त आनी पयशेय खर्च जाले. हाची भरपाय म्हणून मागिल्ली म्हायती दिवपा वांगडा १० हजार रूपयांची लुकसाण भरपाय याचिकादाराक दिवपाचो आदेश मुखेल म्हायती आयुक्त (सीआयसी) अरविंदकुमार नायर हांणी वास्तुशिल्पकला महाविद्यालयाक (आर्किटेक्चर कॉलेज) दिलो. ह्या आदेशाक लागून याचिकादार रॉय डिसोझा हांकां थाकाय मेळ्ळी.

.